Akashvani Panaji Goa

Regional News

7.25am 09.04.24

---

## संवसार पाडवो SUBHASH 130

आयज संवसार पाडवो. हिंदू पंचांगाप्रमाण आयज नवें वर्स सुरु जाता. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळयार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो 'एक' शुभ म्हूर्त अशें मानतात. आयजसावन शालीवाहन शक १९४६ 'क्रोधी' नाम संवत्सर सुरु जाता. आयज सकाळी गुढी पूजन करून ह्या दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश , नवी आस्थापनां सुरु करप, नव्या प्रकल्पांची पायाभरणी करप, नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां फाल्याचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. आयजसावन रामांच्या तशेंच हेर देवळांनी रामनवरात्रोत्सवाच्यो कार्यावळी सुरु जातल्यो. भजन, कीर्तन, नामस्मरण अश्या कार्यावळींचो तांतूत आसपाव जाता. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात. तातूंत आयजचो संवसार पाडवो-एक, दसरो-एक, अक्षय्य तृतिया-एक आनी गोरवांचो पाडवो म्हळयार कार्तिक शुद्ध प्रतिपदा-अर्धी अशें मेळून साडेतीन म्हूर्त.

## प्रचार ganesh 110

राज्यांत लोकसभा वेचणुकेचो प्रचार नेटान सुरू आसा. पयलीच उमेदवार जाहीर जाल्ल्यान कॉंग्रेसीच्या तुलेत सत्ताधारी भाजपान प्रचारात आघाडी घेतल्या.

फाल्या संसार पाडवो. साडेतीन सुभ मुहूर्ता पयकी एक मुहूर्त आशील्ल्या फाल्याच्या दिसा कॉंग्रेसीचे उमेदवार प्रचाराचो नाल्ल फोडटले. कॉंग्रेसीचे उत्तर गोंयचे उमेदवार एड. रमाकांत खलप आनी दक्षिण गोंयचे उमेदवार कॅपटन वीरियातो फर्नांडिस हांणी मतदारांकडे संपर्क साधपाक सुरवात केल्या.

काल दक्षीण गोंय भाजप उमेदवार पल्लवी धेम्पो हाणी आयज मडगाव वाठारात प्रचार केलो. हे वेळार आमदार दिगंबर कामत, आदले आमदार दामू नायक आनी हेर कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले. केंद्रिय मंत्री आनी उत्तर गोंयचे उमेदवार श्रीपाद नायक हांचो उत्तर गोयांत नेटान प्रचार सुरू आसा. साखले, दिवचल, पेडणे, पणजी ह्या वाठारात ताणी संपर्क साधला. जसजसे मतदान लागी पावता, तसतसो प्रचाराचो नेट वाडत आसा.

## स्मार्ट सिटी development 130

स्मार्ट सिटी development limited म्हळयार IPSCDL हाणी पणजेच्या मुळाव्या सुविधांच्या विकासांत प्रगती केल्या. अत्याधुनिक मिलिंग मशीन ह्या स्मार्ट सिटीच्या रस्त्याच्या कामाखातीर हाडला. देखून शारातले रस्ते आता गुळगुळीत जाल्ले दिश्टी पडतले. फुटपाथ आनी इमारतीच्या मुखेल दाराची पातळी रस्त्याच्या पातळे प्रमाण दवरप ही कंपनीची मुखेल समस्या आशिल्ली. लोकांच्योय हेविशी कागाळी आशिल्ल्यो. न्यायाधीशानी रस्त्याच्या कामांची पळोवणी केले उपरांत ह्याय समस्येर उपाय काडटले अशे न्यायालयाक सांगिल्ले. शेनवारा मशिनां शारांत पावली. आता रस्त्याच्या पातळेचो प्रस्न सुटावो जातलो. हे एक प्रगत आनी अचुक तंत्रगिन्यान आसा. मजगती स्मार्ट सिटीच्या कामाक जावपी कळावाखातीर मंत्री आनी पनजेचे आमदार आतानासियो मोंसेरात हाणी पणजेच्या नागरीकांची माफी मागल्या. पणजेची कामा एकदा पुराय जाली की लोक हे सगळे त्रास विसरतले. पोरण्या शारांत नव्यो सुविधा दिवपाक वेळ लागता पुण लोकानी बरोच त्रास सोसून केल्ले सहकार्य विसरूंक शकचे ना अशे ते उलयले.

मजगती I PSC OL नेपालीन शासनाला गार वेवचेच्या मॅचीगावातीर सोची सल्लागार समिती नेमल्या. ही समिती शारातल्योगटार वेवचेचे मॅपीन्न करपाक बोरबा पयार करतली. MENANG EPSCDL चे वेवस्याप कीय संचालक नशेच मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजीत से श्रेया हांचे कडे आसनले. समितील महानगरपालीका, भू पटे आभी सेंट खाका उत्तर गोय शार नियोजन प्राधिकरण, भौशिक बांधकाम अभियेना, उदकाखाल खाल्याचे कार्यकारी Libe कुचीच्या फावडेशन भाबी पग्रजीची जागरीक पेझारीया जी टो लागुन पावसाळयान पुर सदृश्य । सस्सीसी जावची नाथ हो हे आसा गटारात वावकी उदकाक येवजी आडमी, ट्रेनोन वेवस्वाची ने, ध्याय जापसालदारकी सतितीचेर आया गटार, नाले हांची देखभाल आनी दुरुस्ती वाळी आसपाव आसा

## STORY 140

गोळयांत काय जण पर्यटक म्हण येतात, तेन्ना, काय कार्म ते हांगासरल्यान वांगडाच करतात. डॅन्क त्यांच्या ऑफिसचे काम करूंक मेळचे म्हण कोलवा दर्या देगेर को वर्किंग स्पेस तयार करतले जाका लागून पर्यटन खात्यानं इत्सुका कडच्यान अर्ज मागायल्यात. फाव तिश्वले अर्ज आयले कि निविदा काडटलें. प्रेजें, मंजी आणि अश्वे दर्या देगेरूय हि वेवस्था करतले. हाकालागून पीपीपी तत्वाचेर काम करताले. थंय वह दीडशे पर्यटकांची वेवस्था करताले. त्या काम करपाखातीर सुवात, सर्वर रूम, कॅफेटेरिया, जेवणाची वेवस्था, परिषद घर, रानची कूड हाची सुविधा असतली. तशेच सीसीटीव्ही केमेरा, खासगी सुरक्षा रक्षक असतले. धा वारसा खातीर निविदा धारकाकांक हे काम दितले. फाव ते परवाने घेवचें पडतले. पर्यटकांक आकर्षित करपाक पर्यटन खाते वेगवेगळे प्रकल्प हाडटा. गोयची ओळख फक्त दर्यादेग आणि रेव अशी उरिनसताना आणिक वाड जावची ह्या संकल्पनेतल्यान हि कल्पना मुखार आयल्या. मजा आणि काम अशे अपेक्षित आसा आणि हातूंत विदेश पर्यटकांक आसपावीत करपा खातीर नॉमेड व्हिजा खातीर खाते यत्न करताले